# राष्ट्रीय खबरो

## 24.05.2025 @ 6.30 pm

### नीती

संवसारीक मानकां प्रमाण आनी सगळ्यो सुविधा आनी मुळावी बांदावळ दिवन दरेका राज्यांत उण्यांत उणें एक पर्यटन थळ विकसीत करचे  अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी राज्यांक  उलो मारला. नवी दिल्लींत निती आयोगाचे धावे गव्हर्निंग काउन्सिल बसकेचे अध्यक्षपदार उलयतांना प्रधानमंत्री मोदी हांणी 'एक राज्य: एक संवसारीक थळ ' ह्या विशयाचेर भर दिलो आनी हाका लागून शेजारच्या शारांची पर्यटन थळ म्हूण उदरगत जातली अशें सांगलें. फुडाराक तयार जावपी शारां खातीर वावुरपाची गरज आसा हाचेर भर दितना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, भारत नेटान शारीकरण करता. वाड, नवनिर्माण आनी टिकावूपण हें शारांच्या उदरगतीचें इंजिन आसूंक जाय अशें तांणी भर दिलो. केंद्र आनी सगळ्यो राज्यां एकठांय येवन टीम इंडिया भशेन एकठांय येवन वावुरल्यार कसलेंच ध्येय अशक्य ना अशें सांगून उदरगतीक गती दिवपाची गरजय प्रधानमंत्र्यान भर दिलो. हे बसकेंत उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ, आंध्र प्रदेशाचे मुख्यमंत्री चंद्रबाबू नायडू, हिमाचल प्रदेशाचे मुख्यमंत्री सुखविंदर सिंग सुखू, मध्य प्रदेशाचे मुख्यमंत्री मोहन यादव आनी छत्तीसगढचे मुख्यमंत्री विष्णु देव साई हांचे वांगडा हेर मानेस्त लोक आशीले. तशेंच केंद्र शासित प्रदेशांचे लेफ्टनंट गव्हर्नर, केंद्रीय मंत्री आनी नीती आयोगाचे उपाध्यक्ष, वांगडी आनी सीईओ आशीले. अंदूंचो विशय 'विकसीत राज्या खातीर विकसीत भारत @ 2047'. खातीर विकसित राज्य आसा.

### हाज

साउदी अरेबियांतल्या सगळ्यां खातीर सुरळीत आनी त्रासमुक्त प्रवास सुनिश्चीत करपा खातीर भारत सरकारान दिल्ल्या वेवस्था आनी सुविधांच्या दर्ज्याची हाज यात्रेकरुंनी तोखणाय केली. दरेका हाज यात्रेकरु खातीर आरामदायी आणि सन्माननीय प्रवास सुनिश्चीत करपा खातीर मंत्रालय सतत यत्न करता अशें

अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्रालयान एक्साचेर पोस्ट केलां. मजगतीं, अल्पसंख्यांक वेव्हार राज्यमंत्री जॉर्ज कुरियन हांणी काल यात्रेकरुंक हाज सुगम आनी यशस्वी जावचो हे खातीर केंद्रान केल्ल्या समर्पीत यत्नांचेर भर दिलो.

महेश 120

राष्ट्रीय नुस्तेमारी डिजिटल मंच NFDP हें नुस्तेमारी पशुसंवर्धन आणि दुग्धव्यवसाय मंत्रालयाच्या विभागान मांडलेले पयलेच औपचारिकीकरण हो मंच प्रधानमंत्री मत्स्य किसान समृद्धी सहाय येवजण PM-MKSSY खाला सुरू केला, जी चालू आशिल्ल्या प्रधानमंत्री मत्स्य संपदा योजना PMMSY ची उपयोजना आसा. ह्या फायद्यांचो लाव घेवपा खातीर अर्जदारांक फकत एनएफडीपी पोर्टला वरवीं नोंदणी आनी अर्ज करपाची गरज आसा, जाका लागून प्रक्रिया पारदर्शक आनी कार्यक्षम जातली. विमो आपणावपाक प्रोत्साहन दिवन आनी जायत्या फायद्यांचो सोपो प्रवेश दिवन, एनएफडीपी नुस्तें पालकाक जोखीम उणी करपाक, उत्पादकता सुदारपाक आनी तांचो वेवसाय टिकावूपणान वाडोवपाक मदत करता. नुसते व्यवसाय, पशुसंवर्धन आणि दुग्धव्यवसाय मंत्रालयाच्या नुसते व्यवसाय विभागाचे सचिव अभिलाष लिखी हाणी हालीच गोयातल्या नुसतेमार, नुसतेपालक आणि नुसतेमार संघटनांच्या प्रतिनिधी वांगडा तांचे हुसके सांगपाक आणि अभिप्राय सामायिक करपाक एक आभासी संवादात्मक सत्र आयोजित केले.

मन की 45

फाल्यां सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवणीचेर जावपी मान की बात कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देशभरांतल्या आनी विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडतले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 122वो भाग आसतलो. आकाशवणी आनी दूरदर्शन नेटवर्क, ऑल इंडिया न्यूज संकेतथळ आनी न्यूजएअर मोबायल अप्पां वरवी हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो.

हवामान

केरळांतल्या नैऋत्य पावसाची तीव्रता आनीक वाडपाची शक्यताय आसा अशें सांगून हवामान खात्यान आयज राज्यांतल्या स जिल्हयां खातीर ऑरेंज अलर्ट जारी केला आणि खूब दडकानी  पावस पडपाची शिटकावणी दिल्या. आयज सांजवेळा जाहीर केल्ल्या ताज्या हवामान बुलेटीनां प्रमाण  त्रिशूर, मलाप्पुरम, कोझीकोड, वायनाड, कन्नूर आनी कासारगोड जिल्हे ऑरेंज अलर्टां खाला आसात. मान्सून प्रणाली आनीक खर जावपाची शक्यताय आशिल्ल्यान आयएमडीन आयतारा पांच जिल्हयां खातीर आनी सोमारा सात जिल्हयां खातीर रेड अलर्ट जारी केला.

स्पोर्ट

बॅडमिंटनांत भारताचो दिग्गज बॅडमिंटन खेळगडो किदम्बी श्रीकांत  हाणे कुआलालंपूरांत मलेशिया मास्टर्साच्या दादल्यांच्या एकोडी खेळात  जपानाच्या युशी तनाकाचेर रोमांचक जैत मेलोवन फायनलीत प्रवेश केला फाल्यां फायनलींत भारतीय स्टार खेळगडो चीनाच्या संवसारीक चार क्रमांकाच्या ली शी फेंगा आड झुजतलो.

चौधरी

भारतभरांतल्या सुमार एक लाख विद्यार्थ्यांक एआय प्रशिक्षण आनी मुल्यांकन फुकट दितले अशें कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता राज्यमंत्री जयंत चौधरी हांणी सांगलें. आगामी स्किलिंग फॉर रेडीनेस एआय कार्यक्रमांतर्गत, सवी ते बारावीच्या विद्यारथ्य खातीर करतले. तशेंच ह्या कार्यावळींतल्यान विद्यार्थ्यांक स्वताचें मुल्यांकन, ऑनलायन परिक्षा, ऑनलायन अभ्यासक्रम आनी ते खातीर प्रमाणपत्र आनी क्रेडिट मेळोवपाची संद मेळटली अशें तांणी सांगलें.

नमस्कार